# कर्तव्यपथार प्रजासत्ताक दीस संचलनात गोंयच्या चित्ररथाचे सादरीकरण

ता. 27 जानेवारी 2025

नवी दिल्लीत कर्तव्यपथार प्रजासत्ताक दीस संचलनाच्या सांस्कृतीक मिरवणूकीत गोंयच्या चित्ररथाचे सादरीकरण जाले. स्वर्णिम भारत, विरासत और विकास म्हळ्यार सुवर्ण भारत, वारसो आनी विकास, ह्या संकल्पने वयल्या गोंयच्या चित्ररथा वरवीं संगीत आनी नाचाच्या सादरीकरणा वरवीं राज्याचो सांस्कृतीक वारसो आनी प्रगतीचे दर्शन घडोवपात आयले.

गोंय सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन प्रदर्शीत करपात आयिल्ल्या गोंयच्या चित्ररथाक प्रेक्षकांनी टाळयांनी येवकार दिलो.

राज्यातल्या कलात्मक वारशाचे प्रदर्शन करपी कावी रंगकलेतली देवळाची दर्शनी आकृती, पवित्र दिवजां परंपरा आनी संस्कृती, इतिहासीक आग्वाद किल्ल्या वयल्या दीपघराचो देखावो, गोंयच्या पर्यटन थळांचे दर्शन घडोवपी साहस पर्यटन, उदका खेळ, जलसफर, पॅरासेलिंग, व्हिंडसर्फिंग, स्कुबा डायव्हिंग आनी कला-संस्कृतीचे दर्शन घडोवपी देखावो सादर केलो.

गोंयचो चित्ररथ वारखंडे फोंडेचे नामनेचे कलाकार श्री. सुशांत खेडेकर हांच्या संकल्पनेतल्यान तयार केल्लो. चित्ररथा खातीर संगीत डॉ. साईश देशपांडे हांणी दिले. दिनेश प्रियोळकार हांच्या फुडारपणा खाला गोंयच्या कलाकारांनी नृत्य सादरीकरण केले. नृत्यदिग्दर्शन निषाद हांणी केल्ले. वेशभुशा संगीता आनी अवनी खेडेकार हांणी केल्ली.

ह्या वर्सा कर्तव्यपथार प्रजासत्ताक दीस संचलनात केंद्रीय मंत्रालयांसयत 16 राज्यां आनी संघप्रदेशांनी सादर केल्ल्या चित्ररथां वरवीं आपली सामाजीक परंपरा, संस्कृती, इतिहासीक वारसो, अर्थवेवस्था आनी तंत्रज्ञानाचेर प्रदर्शन केले.

कर्तव्यपथा वयल्या संचलना उपरांत गोंयचो चित्ररथ लाल किल्ल्याचेर 26 ते 31 जानेवारी मेरेन आयोजीत भारत पर्व सुवाळ्यात प्रदर्शीत केल्लो आसतलो. भारत पर्व सुवाळ्यात दर दिसा वेगवेगळ्या राज्यांतल्या कलाकारां वतीन सांस्कृतीक कार्यावळ सादर करपात येता.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/101

--
---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.